# 10 फेब्रूवारीक राष्ट्रीय दंत निर्मूलन दीस पाळटले

ता. 7 फेब्रूवारी 2018
18 माघ 1939

केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयावतीन ता. 10 फेब्रूवारी दिसा दंत निर्मूलन दीस पाळटले. ह्या दिसा 1 ते 19 वर्सां पिरायेमदल्या सगळ्या भुरग्यांक सरकारी, सरकारी अनुदानीत आनी खाजगी शाळां तशेंच अंगणवाडी केंद्रानी पिरायेप्रमाण अर्दी किंवा एक आल्बेनडाजोल टेब्लेट दितले. भुरग्यांची सर्वांगी भलायकी, पोषण, शिक्षणिक प्रगती आनी जीणेच्या दर्जात सुदारणा जावची हो ह्या दंत निर्मूलनाचो उद्देश आसा. शिक्षण संचालनालय, उच्च शिक्षण संचालनालय आनी बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयाच्या सहकार्यान हो कार्यक्रम राबयतले. ता. 10 फेब्रूवारीक ज्या भुरग्यांक हो डोस चुकतलो अशा भुरग्यांक ता. 15 फेब्रूवारीक डोस दितले. ही मोहिम यशस्वी करपाक सगळे पालक, शिक्षक आनी अंगणवाडी सेवीकांनी सहकार्य करचे.